राजश्री कामत    राष्ट्रीय खबरो

05.06.2025 @ 6.30 pm

पीएम 90

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी त्यांच्या सरकारचे वर्णन गरिब कल्याणा खातीर दयाळू आणि समर्पित आशिल्याचे केला. केंद्रातल्या एनडीए सरकाराक ११ वर्षे पुराय जाता ते निमित्त मोदींनी केंद्रान गरिबीतल्यान लोकांक भायर काडपाक उबारील्या पथदर्शी पावलांचेर आणि सक्षमीकरण, मुळाव्यो सुविधा आणि समावेशनाचेर भर दिवपाचेर भर दिला. सोशल मीडिया पोस्टत, मोदींन म्हळा की, पंतप्रधान आवास योजना, पंतप्रधान उज्ज्वला योजना, जन धन योजना आणि आयुष्मान भारत यासारख्या उपक्रमांक लागुन घरा, स्वच्छ रानपाक इंधन, बँकिंग आणि भलायकी सेवेची उपलब्धता वाडल्या. थेट लाभ हस्तांतरण, डिजिटल समावेशन आणि ग्रामीण मुळाव्या सुविधांक प्रोत्साहन दिल्यान पारदर्शकता आणि निमण्या घटका मेरेन लाभ बेगोबेग पावपाची खात्री जाल्या.

पीएम envt 130

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज जागतिक पर्यावरण दिसानिमित्त नवी दिल्लीत भगवान महावीर वनस्थळी पार्कात एका खाशेल्या वृक्षारोपण मोहिमेचे फुडारपण केले. एक पेड माँ के नाम उपक्रमांतर्गत मोदींनी अरवली ग्रीन वॉल प्रकल्पाचो एक भाग म्हणून हे रोप लायले, ज्याचो उद्देश अरवली पर्वतरांगांच्या ७०० किलोमीटरच्या भागात पुनर वनीकरण करप आसा.दिल्ली, राजस्थान, हरियाणा आणि गुजरात सयत चार राज्यांच्या २९ जिल्ह्यांतल्या अरवली पर्वतरांगांच्या भोवणच्या पाच किलोमीटरच्या बफर क्षेत्रात हिरवळ पसरवप हे या प्रकल्पाचो उद्देश. तशेच ह्या प्रदेशातल्या मातीची सुपीकता, उदकाची उपलब्धता आणि

हवामान लवचिकता सुधारप होय हेत आसा.हे कार्यावलीत उलयताना तानी म्हणले की BYTE

या वेळार मोदीं हाणी दिल्ली सरकारच्या शाश्वत येरादारी उपक्रमांतर्गत २०० इलेक्ट्रिक बसींक पाचवो बावटो दाखयलो. जागतिक पर्यावरण दिसानिमित्त, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नागरिकांक तांचो संकल्प दृढ करपाचे आणि गीर्याचे रक्षण करपाच्या त्यांच्या वचनबद्धतेची पुष्टी करपाचे आवाहन केले

प्रधान 85

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी आज नवी दिल्लीत एक रोपटे लायले आणि एक पेड माँ के नाम २.० मोहिमेचो शुभारंभ केलो. या कार्यक्रमा वेळार मंत्र्यांनी एक पेड माँ के नाम २.० वेली खासा मॉड्यूल आणि वेबसाइटय लाँच केली, ज्यातुन मिशन लाईफ खातीर इको क्लबच्या कार्याचेर लक्ष दवरपाक एक वेब पोर्टल आसपावता. मेळाव्यात उलयताना प्रधान हाणी अधोरेखित केले की देशातले कार्बन उत्सर्जन इच्छित मर्यादेपेक्षा कमी आसा.. मंत्र्यांनी फुडाऱ्यातला पिळग्यांक २०७० पर्यंत तयारी करपाचेर भर दिलो.ताणी पर्यावरण संवर्धना खातीर शाश्वत विकास पद्धतींचो अवलंब करपाचे आवाहनय केले.

थरूर 55

काँग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या बहुपक्षीय शिश्टमंडळान अमेरिकेचे फुडारी, वरिश्ठ अधिकारी आनी भारतीय प्रवासी लोकां कडेन जाल्ले बसकेंत आतंकवादाच्या विरोधांत भारताची खर भुमिका परत सांगल्या.

वॉशिंग्टन डी.सी.त सभाघराच्या परराश्ट्रीय वेव्हार समितीच्या फुडाऱ्यांक मेळून थरूर हाणी  दहशतवादी हल्ल्यांचो  निषेध करपाक आणि भारताच्या स्वतःच्या बचावाच्या अधिकाराचे रक्षण करपाक पुराय एकमत आसा आशे सांगून म्हणले की, .BYTE

Rbi 60

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन ह्या विशयांचेर हिंदींत मूळ लेखन आनी संशोधनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर अर्थशास्त्र, बँकिंग आणि वित्तीय विषयांचेर मूळ हिंदींत पुस्तकां बरोवपाची येवजण' सुरू केल्या हिंदीत  मूळ पुस्तका  बरोवपाक प्रत्येकी एक लाख पंचवीस हजार रुपयांचे तीन पुरस्कार दितले. इत्सूक भाग घेवप्यांक आरबीआयन ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे मेरेन थारायिल्ल्या प्रोफॉर्मांत आपलीं नामांकनां आनी पुस्तकांची प्रती सादर करपाक आमंत्रीक केलां. हाचो तपशील आरबीआय संकेतथळार आसा.

वेदर 100

भारतिय हवामान खात्यान आयज ईशान्य भारतांत घोंगयानी पावस पडपाची  आनी फुडले सात दीस ह्या वाठारांत पावस पडपाचो अदमास काडला. दिल्ली, पंजाब, हरियाणा आनी चंडीगढ हांगा आयज वायव्य भारतांत वादळी वारे आणि विजांसयत वादळी वारे व्हावतले असो अदमास भारतिय हवामान खात्यान उक्तायला. आयतारा मेरेन मध्य प्रदेश, विदर्भ, छत्तीसगड आनी उदेंत आनी मध्य भारतांत गडगड, खर वारें आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत दक्षिण द्वीपकल्प भारतांतल्या दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, रायलासीमा आनी भितरल्या कर्नाटकांत अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन ओडिशांत आनी अस्तंत राजस्थानांत ह्या म्हयन्याच्या 7 तारखे सावन उश्णताय ल्हारांची

परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारत हवामान खात्यान उक्तायला.

स्पोर्ट्स 50

हॉकींत बायलांच्या आशिया कप 2025 चें वेळापत्रक जाहीर जालां. ही सर्त अंदू 5 ते 14 सप्टेंबर मेरेन चीनांतल्या हांग्झू शारांत जातली. भारतीय बायलांचो हॉकी पंगड 5 सप्टेंबराक थायलंड आड आपली मोहीम सुरू करतलो.भारतीय पंगडाक डिफेंडिंग चॅम्पियन जपान, थायलंड आनी सिंगापूर हांचे वांगडा ब गटांत दवरला, जाल्यार अ गटांत यजमान चीन, कोरिया, मलेशिया आनी चीनी ताइपे हांचो आस्पाव आसा.